**NATIONAL NEWS**

**2 February 2025**
**6.30 PM**

**पीएम 60**

भारत आनी इंडोनेशियाचे संबंद फकत भू-राजनीतीक न्हय तर हजारांनी वर्सां आदले आसात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें.

इंडोनेशियेची राजधानी जकार्ता शारांत श्री सनातन धर्म आलयमाच्या महा-कुंभाविशेगमाक ऑनलायन संबोधीत करतना ते उलयताले.

भारत आनी इंडोनेशियेची संस्कृताय संबंद अध्यात्मा वरवीं जोडिल्ले आसात. प्रंबानन देवळा सारकिल्ल्या इंडोनेशियांतल्या देवळांक जेन्ना भारतीय भॅट दितात तेन्ना तांकां काशी आनी केदारनाथाची याद जाता अशें तांणी सांगलें.

**दिल्ली प्रचार 35**

दिल्लींत विधानसभा वेंचणुकेच्या प्रचाराचे दोनूच दीस उरिल्ल्यान राजकी पक्षांचे मतदारांक आकर्शीत करपा खातीर नेटान यत्न चल्ल्यात.

आम आदमी पार्टी, भाजपा आनी काँग्रेसीचे नामनेचे फुडारी आपल्या उमेदवारांक तेंको मेळचो हे खातीर रॅली आनी रोड शोनीं वांटेकार जाल्यात.

**जस्टीन ट्रूडो 100**

अमेरिके वतीन लायिल्ल्या आयात शुल्काक जाप दितनां कॅनडाचे प्रधानमंत्री जस्टीन ट्रूडो हाणीं अमेरिकेंतल्यान तांच्या देशांत येवपी एकशें पंचावन्न बिलीयन डॉलर मोलाच्या सामानाचेर 25 टक्के शुल्क लावपाची घोशणा केल्या. तशेंच 125 अब्ज डॉलर मोलाच्या अमेरिकन वस्तूंचेर 21 दिसां भितर होच शुल्क लावपाची घोशणा तांणी केली.

सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री ट्रूडो हांणी आपल्या मंत्रीमंडळाक मेळिल्ल्याचें सांगलां आनी मेक्सिकोची राश्ट्रपती लॉडिया शिनबॉम हांचे कडेनय उलयतले अशें तांणी म्हळां.

मजगतीं चीनांतल्या आयातीचेर 10 टक्के अतिरिक्त शुल्क लावपाच्या अमेरिकेच्या कृतीचो चीनान विरोध केला. हाचे आदीं मेक्सिकोची राश्ट्रपती लॉडिया शिनबॉम हांणीय अमेरिकेचे राश्ट्रध्यक्ष डॉनाल्ड ट्रम्प हांणी घातिल्ल्या शुल्काचो आपलो देश जाप दितलो अशें सांगिल्लें.

**जीएसटी 80**

अंदूं जानेवारी म्हयन्यांत वस्तु आनी सॅवा कर - जीएसटीच्या रुपांत वट्ट एक लाख पंच्याण्णव हजार कोटी रुपयां परस चड येणावळ मेळ्ळया.

जानेवारी 2024 वर्साच्या तुळेंत ह्या म्हयन्यांत कर येणावळींत 12.3 टक्क्यांनी वाड जाल्या. ह्या म्हयन्यांत केंद्रीय वस्तू आनी सॅवा कर वसुली छत्तीस हजार सत्त्यात्तर कोटी रुपया आनी राज्य वस्तू आनी सॅवा कर वसुली चोवेचाळीस हजार णवशें बेचाळीस कोटी रुपया आसा. एकठांय वस्तू आनी सॅवा कर वसुली 1 लाख कोटी रुपया आनी उपकर वसुली 13 हजार चारशें बारा रुपया इतलें आसा.

**वसंत पंचमी 90**

आयज देशभर वसंत पंचमीची परब मनयतात. हे परबे निमतान लोक, विद्या आनी प्रज्ञेची देवी सरस्वती कडेन प्रार्थना करतात. ह्या उत्सवाक वसंत ॠतूचेंय आगमन जाता - नवी सुरवात आनी सैमाची सोबीतकाय मनयपाचो हो काळ.

राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हे परबे निमतान लोकांक परबीं भेटयल्यां.

शिक्षण आनी गिन्याना कडेन संबंदीत आशिल्लो ही खोस पातळावपी परबे निमतान देशांतल्या सगळ्या नागरिकांक सुख, समृध्दी आनी

बरी बुद्धी प्राप्त जावची अशी  इत्सा राष्ट्रपती मुर्मू हांणी एका सोशल मिडियावेल्या पोस्टा वरवीं  उक्तायली. ह्या दिसाच्या म्हत्वाचेर भर दिवन राष्ट्रपतीनीं  संवसारांतलें गिन्यानाचें केंद्र म्हूण स्थापन जावचें अशेंय मागणें केलें.

**'हर कंठ में भारत' 135**

संस्कृती मंत्रालयान आकाशवाणीच्या सहकार्यान आयज नवी दिल्लीच्या आकाशवाणी  भवनांत 'हर कंठ में भारत' ही खाशेली शास्त्रीय संगीत कार्यावळ सुरू केली.

ही कार्यावळ आयच्यान 16 फेब्रुवारी मेरेन दर दिसा सकाळीं 9:30 ते 10:30 वरां मेरेन 21 अखिल भारतीय रेडिओ केंद्रांचेर लायव्ह प्रसारीत जातली.

ह्या कार्यावळीचें उक्तावण संस्कृती मंत्रालयाचे सचीव अरुनीश चावला आनी प्रसार भारतीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी गौरव द्विवेदी हांणी केलें. अखिल भारतीय रेडिओचे महासंचालक डॉ. प्रज्ञा पालीवाल गौर ह्या हाजीर आशिल्ली.

'हर कंठ में भारत' ह्या उपक्रमाक लागून तरणाट्या कलाकारांक आपली प्रतिभा राष्ट्रा मुखार दाखोवपाची एक माची मेळटली अशें अरुनीश चावला हांणी  सांगलें. ह्या कार्यावळींत सगल्या प्रकारच्या शास्त्रीय आनी लोकसंगीताचो आस्पाव जातलो अशी म्हायती तांणी दिली. हो संस्कृती मंत्रालयाचो एक आगळोच उपक्रम आसून ताका

लागून कलाकारांकच न्हय तर आकाशवाणीचेय प्रेक्षक वाडोवपाक मजत जातली अशें डॉ. पालीवाल हांणीं सांगलें.

**क्रिकेट 60**

बायलांच्या क्रिकेटींत 19 वर्सा सकयल्या टी 20 संवसारीक कप सर्तींतल्या निमण्ऱ्या खेळांत भारतान दक्षिण आफ्रिकेचेर 9 खेळगडे राखून घसघशीत जैत मेळोवन संवसारीक कपाचेर आपलें नांव कोरायलें.

दक्षिण आफ्रिकेचें त्र्यांयशीं धावंड्यांचे आव्हान भारतने एक खेळगड्याच्या बदलांत बाराव्या ओव्हरींत पुराय केलें.

भारताची फलंदाज गोंगदी त्रिशा हीणें नाबाद चोवेचाळीस जाल्यार सानिका चाळकेन नाबाद २६ धावंड्यो काडून भारताक जैत मेळोवन दिलें.